# उजो पालोवपी दळाक आवश्यक सुविधांचेर बसकेत चर्चा

ता. 22 जुलय 2021

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज पर्वरे सचिवालयांत अग्नीशमन सेवा संचालनालयाच्या अधिकाऱ्यांची बसका घेवन अग्नीशमन दळाक आवश्यक आशिल्ल्या साधनसुविधांचो नियाळ घेतलो. मुख्यमंत्र्यान अधिकाऱ्यांक दळाक आवश्यक आशिल्ल्यो साधनसुविधा उपलब्ध करपाक तशेंच खात्यात रिकामी आशिल्ली पदां भरपाखातीर पावला उबारपाक सांगलें.

प्रधान सचीव (वित्त) श्री. पुनीतकुमार गोयल, अग्नीशमन सेवा संचालनालयाचे संचालक श्री. अशोक मेनन आनी वित्त खात्याचे अधिकारी बसकेक हाजिर आशिल्ले.

बसकेत अग्नीशमन सेवा संचालनालयाचो विस्तार करप आनी दळाक आधुनिक साधनसुविधां उपलब्ध करपाचेर चर्चा जाली. संचालनालयान लोकांक ऑनलायन सेवा दिवपाखातीर प्रयत्न करचे, अशें मुख्यमंत्र्यान सुचयलें.

मुख्यमंत्र्यान खात्याच्या उपक्रमांचो आनी आपदा येवजणेचोय नियाळ घेतलो. कुंकळ्ळी हांगा पुर्ण दर्जाचे अग्नीशमन स्टेशन उबारपात येतले, अशी म्हायतीय मुख्यमंत्र्यान बसकेत दिली.
म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/612

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji